Panaji National 15th March 2025 8.40am

- पीएम गतिशक्ती अंतर्गत नेटवर्क नियोजन गटाचे 89वे बसकेंत काल रस्तो, रेल्वे, आनी मेट्रो क्षेत्रांतल्या मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचें मुल्यांकन केलें.

- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज आसामांत साबार उदरगत प्रकल्प सुरू करतले.

- भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संस्था-इसरोन उपग्रह प्रक्षेपणांतल्यान सुमार 143 दशलक्ष अमेरिकी डॉलर परकी येणावळ मेळयल्या.

- प्रधानमंत्री सूर्य घर येवजणे खाला महाराष्ट्रान देशांत दुसरें स्थान मेळयलां.

- आयज संवसारीक गिरायक हक्क दीस.

- बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीच्या फायनलींत आयज मुंबय इंडियन्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीं खेळ जातलो.

PM GATI SHAKTI – PROJECT - 120

पीएम गतिशक्ती अंतर्गत नेटवर्क नियोजन गटाचे 89वे बसकेंत काल रस्तो, रेल्वे, आनी मेट्रो क्षेत्रांतल्या मुखेल मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचें मुल्यांकन केलें. हया गटान आठ प्रकल्पांचे मूल्यमापन केले. तातूंत चार रस्ते, तीन रेल्वे आणि एका मेट्रो प्रकल्पाचो आस्पाव जाता.

तातूंत मेघालयांतल्या एनएच-62 च्या दारुगिरी ते डालू विभागातल्या सद्याच्या रस्त्याची दोन पदरी म्हामार्गात उदरगत करपाचो आस्पाव जाता. रेल्वे मंत्रालयाच्या 32 किमी लांब ब्राउनफील्ड प्रकल्पांत मुंबय-पुणे-सोलापूर-वाडी-चेन्नय मार्गाचेर प्रवासी आनी मालवाहतूक येरादारीच्या वाडट्या गरजाचेर उपाय काडला. राजकोट मेट्रो प्रकल्प हो ग्रीनफील्ड शारी येरादारी उपक्रम आसून ताचो हेत

आसा गुजरातांतल्या राजकोट शारांत गर्दी उणी करप आनी वाहतुकीचे एक शाश्वत साधन प्रदान करप.
ह्या उपक्रमांक लागून रसद कार्यक्षमताय वाडटली, प्रवासाचो वेळ उणो जातलो आनी ह्या वाठारांनी म्हत्वाची समाजीक-आर्थीक क्रियाशीलताय निर्माण जातली अशी अपेक्षा आसा अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलां.

Amit Shah – 100

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज आसामांत साबार उदरगत प्रकल्प सुरू करतले. काल सांजवेळार ते गोलाघाटात पावले. शाह गोलाघाट जिल्ह्यांतल्या डेरगांवांत मुख्यमंत्री हिमंत विश्व सरमा आनी केंद्रीय बंदर, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांच्या हाजिरेंत अत्याधुनीक लचित बारफुकन पुलीस अकादेमीचें उक्तावण करतले आनी पुलीस अकादेमीच्या निवासी प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले. गृहमंत्री दनपारां मिझोरामाक भेट दितले आनी आसाम रायफल्स बेस आयझोलांतल्यान ज़ोखावसांगांत स्थलांतरीत करपाच्या सुवाळ्याक हाजीर रावतले. शाह फाल्यां कोकराझार जिल्ह्यांतल्या दोतमा हांगा जावपी ऑल बोडो विद्यार्थी संघटनेचे 57वे वर्सुकी परिशदेंत उलोवप करतले आनी उपरांत, ईशान्य राज्यांतल्या आठ ईशान्य राज्यांच्या मुख्यमंत्र्यां बरोबर गुवाहाटींत ईशान्येक नव्या गुन्यांवकारी कायद्यांची अंमलबजावणी करपाचो नियाळ घेतले.

ISRO – 65

भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संस्था-इसरोन उपग्रह प्रक्षेपणांतल्यान सुमार 143 दशलक्ष अमेरिकी डॉलर परकी येणावळ मेळयल्या. फाटल्या धा वर्सांत इसरोन वट्ट 393 विदेशी आनी 3 भारतीय उपग्रहांचे प्रक्षेपण केला अशें अंतरिक्ष खात्यान सांगलां. जानेवारी २०१५ ते डिसेंबर २०२४ मजगती, हे उपग्रह इस्रोच्या PSLV, LVM3 आणि SSLV प्रक्षेपण वाहनांवरवि यशस्वीरित्या प्रक्षेपित केल्यात. अमेरिका, ब्रिटन, सिंगापोर आनी जायत्या विकसीत देशां सयत 34 देशांचे उपग्रहांचे इसरोन प्रक्षेपण केला.

Maharashtra – 80

प्रधानमंत्री सूर्य घर येवजणे खाला महाराष्ट्रान देशांत दुसरें स्थान मेळयलां. महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी ही म्हायती सोशल मिडियाचेर दिली. महाराष्ट्रान हे येवजणे खाला 1 लाख 92 हजार 936 सौर वीज प्रकल्प स्थापन करून ही सुवात मेळयली. ही येवजण फाटल्या वर्सा 13 फेब्रुवारीक सुरू जाल्ली आनी अंदू 10 मार्च मेरेन देशांत 10 लाख 9 हजार सौरऊर्जा प्रकल्प सुरू जाल्यात. ह्या उपक्रमांत महाराष्ट्र सक्रीयपणान योगदान दितलें अशेंय श्री फडणवीस हांणी सांगलें. हे येवजणे खाला 2026-27 मेरेन एक कोटी कुटुंबांक सौर उर्जा दिवपाचे लक्ष्य आसा.

Maharashtra blast – 40

अंदू 24 जानेवारीक महाराष्ट्रांतल्या भंडारा जिल्ह्यांतल्या आयुध कारखान्यांत जाल्ल्या स्फोटा संबंदी चार अधिकाऱ्यां आड केस नोंद जाल्या. सरकारी अधिकाऱ्यांच्या म्हणण्या प्रमाण ही घडणूक मशीनां आनी हेर भाग दुरुस्त करतना चूक जाल्ल्यान घडली. हे स्फोट घडणुकेंत णव जाणांक मरण आयलें आनी चार जखमी जाले.

Goyal – 70

अमेरिकेचे वेपार प्रतिनिधी जेमीसन ग्रीर हांचे कडेन परस्पर सकारात्मक द्विपक्षीय वेपार कराराचेर फळादीक चर्चा केल्या अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गोयल हाणी सांगलें की, हे संबंदी सरकाराची पद्दत इंडिया फर्स्ट, विकसीत भारत आनी व्यापक रणनिती भागीदारीचेर आदारीत आसा.

फाटल्या सप्तकांत गोयल हाणी वॉशिंग्टनाक भेट दिवन अमेरिकेच्या वाणिज्य आनी उद्देग मंत्र्यां कडेन वेपाराच्या मुद्द्यांचेर उलोवणी केली. भारत आनी अमेरिकेची द्विपक्षीय वेपार करार करपाची येवजण आशिल्ल्यान हो संवादूय म्हत्वाचो.

Vaishnaw – 45

इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव आयज तमिळनाडूच्या एका दिसाच्या भेटे निमतान  चेन्नय भेट वतले. वैष्णव तिरुवल्लूरांतल्या ज़ेटवर्क इलॅक्ट्रॉनिक्साच्या नव्या परिसराचे उक्तावण करतले.

तशेंच हायपरलूप पॉडाक भेट दितले आनी इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी-आयआयटी थाय्यूर कॅम्पसांतल्या पंगडा कडेन संवाद सादतले.  वैष्णव इनोव्हेशन सेंटराकय भेट दितले.

Space x – 40

स्पेसएक्स आनी नासान अमेरिकन अंतरिक्ष यात्री सुनीता विल्यम्स आनी बुच विल्मोर हांकां आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्रांतल्यान परतून हाडपाचें मिशन सुरू केलां. सुनीता आनी बुच णव म्हयने अंतरिक्ष केंद्रांत अडकून पडल्यात. क्रू-10 मिशनाचेर ड्रॅगन अंतरिक्षयान व्हरपी फाल्कन-नाइन रॉकेटचे काल रातीं प्रक्षेपण जाले.

License – 105

देशांतल्या खण क्षेत्राक चालना दिवपाच्या हेतान खण मंत्रालयान गोंय सरकाराच्या सहकार्यान उत्खनन परवान्यांच्या पयल्या लिलावाची सुरुवात केली. केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी. किशन रेड्डी आनी गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गोंयांतल्या एका कार्यावळींत ह्या उपक्रमाचें अनावरण केलें. या लिलावात दुर्मिळ पृथ्वी घटक - जस्त, तांबे आणि हिरे यासारख्या महत्त्वाच्या खनिजांचो आस्पाव आशिल्ल्या 13 परवानो ब्लॉकांचेर भर दितले. हे पारदर्शक ऑनलायन बोली प्रक्रियेचो हेतू पद्दतशीर संशोधनाक गती दिवप आनी खनिज आयातीचेर भारताचें अवलंबन उणें करप. तशेंच ह्या कार्यावळींत एआय हॅकथॉन 2025 चें उक्तावण जालें, जें कृत्रीम बुद्धीमत्ते वरवीं खनिजांक लक्ष्य करपाचो अभ्यास करतले. ह्या काऱ्यक्रमांत खाजगी क्षेत्रांतल्या सहभागाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर तीन खाजगी संशोधन एजन्सींक प्रमाणपत्रां दिली.

Consumer Rights – 50

आयज संवसारीक गिरायक हक्क दीस. दर वर्सा 15 मार्चाक गिरायकांचे हक्क आणि संरक्षण हांच्या समर्थनाच्या गरजेची याद करून दिवपाखातीर  हो दीस मनयतात. तशेंच सगळ्या गिरायकांच्या मुळाव्या हक्कांक प्रोत्साहन दिवप आनी

त्या हक्कांचो आदर आनी संरक्षण  करपाची संद दिव्हीपी हो दिस. संवसारीक गिरायक हक्क दीस 2025 चो विशय आसा 'शाश्वत जीवनशैलीखातीर योग्य बदल.'

Canada – 55

आदलो केंद्रीय बँकर मार्क कार्नी कॅनडाचे नवे प्रधानमंत्री जाल्यात. 59 वर्सां पिरायेच्या  कार्नी हाणी प्रधानमंत्री जस्टीन ट्रूडो हांची सुवात घेतल्या. ट्रूडो णव वर्सां कॅनडाचे  प्रधानमंत्री आशिलले. किंग चार्ल्साची वैयक्तीक प्रतिनिधी गव्हर्नर जनरल मेरी सायमन हिणें काल ओटावात कार्नी हांका  24वो प्रधानमंत्री  म्हूण सोपूत दिलो. सोपूत घेतले उपरांत कार्नी हांणी सांगलें, कॅनडा केन्नाच अमेरिकेचो भाग जावचो ना.

WPL – 60

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेट सर्तीच्या फायनलींत आयज मुंबय इंडियन्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजवेळा 7.30 वरांचेर मुंबयच्या ब्रेबोर्न स्टेडियमाचेर ही मॅच सुरू जातली.

मेग लॅनिंगाच्या फुडारपणा खाला दिल्ली कॅपिटल्सन  आठ मॅचींतल्यो पांच मॅची जिखल्या. दिल्ली कॅपिटल्स पॉयंट कोश्टकांत पयलें सुवातेर पावून फायनलींत पावलां. दिल्ली कॅपिटल्साची ही संगीत तिसरी फायनल.  ह्या पंगडाक अजून चॅम्पियनशीप मेळूंक ना.

Paragliding – 45

आंतरराष्ट्रीय पॅराग्लायडींग महोत्सव 19 ते 23 मार्च मेरेन केरळांतल्या कोलाहलामेडू  वागामोन  हांगा जातलो. 11 देशांतले 86 जाण भाग घेतले. पांच दिसांची ही कार्यावळ केरळ ॲडव्हेंचर टूरिझम प्रमोशन सोसायटीन ऑरेंज लायफ पॅराग्लायडींग स्कुलाच्या सहकार्यान घडोवन हाडल्या. तातूंत प्रतिष्ठित आंतरराष्ट्रीय टॉप लँडिंग ॲक्युरसी कपसयत स स्पर्धात्मक विभाग आसतले.